Akashwani Panaji National news 8.40 am 13th March 2026

विदेश मंत्रालयाचे प्रवक्ते रणधीर जायसवाल हांणी, फाटल्या कांय दिसांनी विदेश वेव्हारमंत्री डॉ. एस. जयशंकर  हाणी इराणचे मंत्री सय्यद अब्बास अरघची वांगडा तीन फावती भासाभास केली अशे सांगले . भारताच्या जहाज येरादारी आनी उर्जा सुरक्षा संबंदीत प्रस्नांचेर दोनूय फुडाऱ्यां मदीं चर्चा जाल्ली अशें ताणी सांगलें. Bytes  २३   sec

राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू हांणी शेती मळार खास करून कृषी-अन्न  प्रणालींत बायलांच्या नेतृत्वाक उर्बा दिवप म्हत्वाचें अशें म्हणला. कृषी-अन्न  प्रणालींत बायलांचे भुमिके विशीं संवसारीक परिशदेचें ताणी काल नवी दिल्लींत उक्तावण केलें. भारतान बायलांच्या फुडारपणा खाला उदरगतीचे धोरण स्वीकारला. सगळ्या पांवड्यार बायलांचो चड वांटो आसल्यार लैंगिक समानताय तिगोवन दवरून शेती उदरगतीक चालना मेळटली अशें ताणी सांगलें. Bytes २८ sec

देशांतल्या शेतकी मळार बायलां म्हत्वाचे योगदान दितात अशे  कृषी मंत्री शिवराज सिंग चौहान हांणी सांगलें.  आयसीएआर धोरण प्रभावीपणान चालीक लावपा खातीर माची सुरू करतले अशी म्हायती तांणी दिली. Bytes१७ sec

PM

अस्तंत आशियांत व्यत्यय येवन लेगीत संवसारीक पांवड्यार भारत एक बरी मान्यताय मेळिल्लें  राष्ट्र थरला  अशें प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी सांगलें. काल नवी दिल्लींत जाल्ल्या NXT कॉन्क्लेव्हांत उलोवप  करतना प्रधानमंत्री मोदी हांणी , ह्या वाठारांत आव्हानात्मक परिस्थिती आसून लेगीत देश स्थीर आनी लवचीक आसा अशे सांगले. अस्तंत आशियांतल्या संघर्शाक लागून पुरवण साखळींतल्या व्यत्ययाक तोंड दिवपा खातीर सरकार परिस्थितीचेर बारीकसाणेन नदर दवरता अशें प्रधानमंत्री मोदी हांणी सांगलें. उर्जा क्षेत्रात  संबंदीत आव्हानांक तोंड दिवपाची सरकाराची वचनबद्धतायेची  तांणी तोखणाय केली आनी तेल उत्पादनाक प्रोत्साहन दिवप, उर्जा मेळोवपाचो विस्तार करप आनी क्षेत्रांत आत्मनिर्भरताय घटमूट करपाचे यत्न सुरू आसात अशें तांणी मुखार  सांगलें.

PM

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आयज सावन दोन दिसांच्या आसामच्या दौर्यार आसतले . ह्या भेटी वेळार प्रधानमंत्री मोदी राज्यांत 47 हजार 800 कोटी रुपया परस चड मोलाचे जायते उदरगत प्रकल्प सुरू करतले. प्रधानमंत्री दनपारां कोकराझार पावतले आनी भूमिपूजन उपरांत , बुन्यादी फातर बसोवन  4,570 कोटी रुप्याच्या  मोलाच्या प्रकल्पांक बावतो दाखयतले.  ह्याच वेळार  ते कोकराझारांत रेल्वे नियतकालिक Overhauling कार्यशाळेची  बुन्याद घालतले आनी Kamakhya-Charlapalli अमृत भारत एक्सप्रेस; Guwahati-New Jalpaiguri एक्सप्रेस, आनी Narangi-Agartala Express ह्या गाड्यांक पांचवो बावतो दाखयतले .

PM

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदीय आयज गुवाहाटी सावन प्रधानमंत्री किसान सम्मान निधीचो 22वो हप्तो जारी करतले . केंद्रीय कृशी आनी शेतकार कल्याण मंत्री शिवराज सिंग चौहान हांणी , प्रधानमंत्री मोदी सुमार 9 कोटी 32 लाख शेतकारांच्या बँक खात्यांत डायरेक्ट बेनिफिट ट्रान्सफरांतल्यान 18 हजार 640 कोटी रुपया जारी करतले अशे सांगले

LOKSABHA

अनुदानाची पूरक मागणी - 2025-2026 वर्सा खातीर ह्या विशयाचेर लोकसभेत  फुडली चर्चा आनी मतदान जातलें . सभाघरांत जाल्ले चर्चेक अर्थमंत्री निर्मला सीतारमण जाप दितली. राज्यसभेंत ग्रामीण उदरगत मंत्रालयाच्या वावराचेर फुडली चर्चा जातली. काल लोकसभेंत केंद्रीय पेट्रोलियम आनी सैमीक वायू मंत्री हरदीप सिंग पुरी हांणी अस्तंत आशियांत चालू आशिल्ल्या संघर्शाक लागून संवसारीक उर्जेची पुरवण खंडीत जाल्ल्यान सरकारान घेतिल्ल्या पावलांचेर निवेदन केलें.

लोकसभा अध्यक्ष ओम बिर्ला हाणी आपणे सदाच सभाघराचे कामकाज निपक्षपणान शिस्तन संतुलितपणान  आनी नेमा प्रमाण चलचें हे खातीर सदांच यत्न केल्यात अशे सांगला. सभाघराचो मान, शिश्टाचार आनी प्रतिश्ठा सातत्यान तिगोवन दवरपाचो आनी सगळ्या वांगड्यांक फावो ती संद दिवपाचो आपूण सदांच यत्न करतां अशें तानी

PM

अस्तंत आशियांतल्या वाठारांतल्या गंभीर परिस्थितीचेर चर्चा करपा खातीर प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी इराणी राष्ट्राध्यक्ष Masoud Pezeshkian हांचे कडेन संवाद सादलो. सोशल मिडियाचेर केल्ल्या पोस्टांत प्रधानमंत्री मोदी हांणी , तणाव वाडून नागरीकांचे जीव वचपा तशेंच नागरी मुळाव्या साधनसुविधांचो लुकसाण जाल्ल्याचो  हुस्को उक्तायला. भारतीय नागरिकांची सुरक्षीतताय आनी सुरक्षा तशेंच उर्जेचें आडमेळीं नासतना संक्रमणाची गरज भारताची मुखेल प्राधान्य उरल्या अशें प्रधानमंत्री मोदी हांणी सांगलें. शांतताय आनी स्थिरताये खातीर भारताची वचनबद्धताय उक्तायली आनी  संवाद आनी मुत्सद्देगिरी करपाचो उलो मारलो.

YOG

मोरारजी देसाय नॅशनल इन्स्टिट्यूट ऑफ योग आयज नवी दिल्लींत योग महोत्सव-2026 घडोवन हाडटा.  आयुष मंत्री प्रतापराव जाधव ह्या कार्यावळीक हाजीर आसतले.  मंत्रालयान १०० दिसांची कार्यावळ घडोवन हाड्ल्या जय शंबर संघटना 100 सुवातींनी आनी शारांनी योगाक चालना दिला . 21 जून हो आंतरराष्ट्रीय योग दीस म्हूण जाहीर करपाचो इतिहासीक निर्णय संयुक्त राष्ट्रांच्या सार्वत्रिक सभेन 2014 वर्सा घेतिल्लो अशें जाधव हांणी सांगलें. तांणी , संवसारभर योगाक मान्यताय मेळप ही देशाक अभिमानाची गजाल आसा  योग हो भारताच्या सांस्कृतीक आनी आध्यात्मिक दायजाचो एक अभिन्न भाग आशिल्ल्याचे तांणी स्पष्ट केले .

Israel

इझ्राएलाच्या हल्ल्यांक लागून इराणी अणुकेंद्रीय शास्त्रज्ञांक मरण आयलां अशें इझ्राएलाचे प्रधानमंत्री बेंजामिन नेतन्याहू हांणी सांगलां. काल रातीं पत्रकार परिशदेंत उलयतना नेतन्याहून इराणाचे नवे सर्वोच्च फुडारी Ayatollah Mojtaba Khamenei हांचो निषेध केलो.तशेंच स्वतान्त्रातायेच्या दिकेन वचपाचे सांगला.

Nagaland

घरांची वळेरी आनी घरां बांदपाचेर लक्ष केंद्रीत करपी जनगणना 2027 चो पयलो पांवडो जुलय 2026 वर्सा नागालँडांत सुरू जातलो अशें अधिकाऱ्यांनी आयज सांगलें.नागालँडाचे मुख्यमंत्री Neiphiu Rio हांणी कोहिमांत जाल्ले बसकेंत सांगलें, 2027 वर्साची जनगणना राज्या खातीर महत्वाची थारतली अशें सांगला

Imd

भारतीय हवामान खात्यान, आयतारा मेरेन अरुणाचल प्रदेशात उटांगराचो पावस पडपाचो अदमास उक्तायला . तशेंच आयज आसाम, मेघालय, उप हिमालय, अस्तंत बंगाल आनी सिक्किम हांगा व्हड पावसाची परिस्थिती आसतली अशें सांगलां. हवामान खात्यान आयज मध्य प्रदेशात उश्णतायेच्या ल्हारांचो अदमास उक्तायला .

sports

फुटबॉलांत काल Yangonतल्या Thuwunna स्टेडियमाचेर जाल्ल्या दोन आंतरराष्ट्रीय मॅचींतल्या पयल्या मॅचींत १७ वर्सा पिराये सकयल्ल्या भारतीय बायलांचा पंगडान म्यानमाराक 2-0 अशी मात करून प्रीतिका बारमनान दोन गूण मेळयले.